# लोककलेखातीर डॉ. कोमल कोठारी स्मृती जीवनगौरव पुरस्कार

ता. 20 सप्टेंबर 2017
29 भाद्रपद 1939

राजस्थानातल्या उदयपूर हांगाच्या पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्रात गोय हे एक वांगडी राज्य असा. पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर हांणी डॉ. कोमल कोठारी ह्यांच्या स्मरणार्थ वर्स 2017-18 सावन जीवनगौरव पुरस्कार घोषित केला.लोककला आनी सांस्कृतिक कार्याखातीर वैयक्तिक आनी संस्था पातळीचेर हो पुरस्कार दितात.

राजस्थान, गुजरात, महाराष्ट्र, गोवा, दमण आनी दीव, दादरा आनी नगर हवेली ह्या केंद्रशासीत प्रदेशांतल्या लोककलांचे संरक्षण, प्रसार आनी प्रचारांक प्रतिष्ठा मिळून दिवपी व्यक्ती वा संस्थात हो पुरस्कार दितले. ज्या व्यक्तींनी पिरायेची 45 वर्सां पूर्ण केल्यात तसेच किमित कमी 10 वर्सां सदस्य राज्यातल्या लोककलांच्या सर्जनशील क्षेत्रात सक्रिय योगदान दिवपी भारतीय नागरीक वा संस्था ह्यांचो पुरस्काराखातीर विचार जातलो. शाल, रौप्य फलक आनी दोन लाख एकावन हजार रूपये अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. या पुरस्काराखातीर दोन वा अधिक व्यक्तींची वा संस्थांची निवड झाल्यार पुरस्काराची रक्कम विभागून दिली वतली.

व्यक्ति आनी संस्थांनी आपली पूराय माहितीसयत पूर्ण भरलेले अर्ज दि. 29 सप्टेंबर 2017 मेरेन संचालक, पश्चिम क्षेत्र सांस्कृतिक केंद्र, बागोरे की हवेली, गणगौर घाट, उदसपूर 313001 (राजस्थान). या पत्त्याचेर पावतले अशें धाडचे. अर्ज आनी चड माहितीखातीर केंद्राच्या http:/www.wzccindia.com या संकेतस्थळाचेर पळोवची.